# राष्ट्रीय खबरो 23.05.2025 @ 6.30 pm

Modi 90

आतंकवाद आसूं वा अशांतताय पातळावपी माओवादी घटक आपलें सरकार शून्य सहिश्णुताय धोरण पाळटा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या रायजिंग ईस्ट इन्व्हेस्टर्स समिटाचें उक्तावण करतना विकसीत भारत तयार करपा खातीर ईशान्य प्रदेशाची उदरगत म्हत्वाची हाचेर मोदी हांणी भर दिलो. ईशान्य वाठारांत आतां ईशान्येक संद मेळपाची भूंय जावपाक लागल्या अशें सांगून गुंतवणूकदारांक ईशान्य वाठारांतल्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांचो सोद घेवपाचो उलो तांणी मारला. उर्जा आनी अर्दवायू सारक्या क्षेत्रां खातीर ईशान्य एक मुखेल गंतव्य जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. ईशान्य हो भारतांतलो सगळ्यांत विविधताय आशिल्लो प्रदेश आनी ही विविधताय ही देशाची तांक अशें तांणी म्हळे byte heal

DU 50

काल काँग्रेसीच्या वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधी हाणी विद्यापिठाच्या परिसरांत दील्या अघोषित भेटीचेर दिल्ली विद्यापिठान हरकत घेतल्या. गांधी एक वर परस चड काळ DUSU कार्यालयांत रावले, ह्या काळांत सुरक्षा कवचान कार्यालया भोंवतणीं घेराव घालो अशे विद्यापिठान निवेदनांत म्हणलां. विद्यापिठान हे भेटीचो निशेध करून, कसलीच कळोवणी दिनासतना विद्यापिठांत आईली राहुल गांधीची ही दुसरी खेप अशें सांगलां.

शाह 70

ऑपरेशन सिंदूर हो पहलगाम हल्ल्याची जाप अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला आनी आयज संवसार भारतीय सशस्त्र दळाच्या शौर्याची कदर करता. सरकाराची घटमूट राजकी इत्सा, गुप्तचर संस्थां कडल्यान मेळिल्ली अचूक म्हायती आनी सशस्त्र दळांच्या प्राणघातक कामगिरीक लागून ऑपरेशन सिंदूर यशस्वी जाल्ल्याचें शाहा हाणी म्हणलें. आयज नवी दिल्लींत सीमा सुरक्षा दल (बीएसएफ)च्या पदग्रहण सुवाळ्यांत उलयतना शाहा हाणी सांगलें,की पाकिस्ताना

आड भारतान केल्ल्या बंडखोरी विरोधी कारवायांनी बीएसएफ आनी सशस्त्र दळान व्हड पराक्रम आनी संरक्षणाची खरी बळगें दाखयलां.

जयशंकर 75

परराश्ट्र मंत्री डॉ जयशंकर हाणी आज बर्लिनात जर्मन चांसलर फ्रेडरिक मर्झ हांची भेट घेतली. जर्मन चांसलरचे परराष्ट्र आणि सुरक्षा धोरण सल्लागार डॉ. गुंटर सॉटर हांचेकडेनय चर्चा केली.  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचीं शुभेच्छा सांगून भारताक आतंकवादाचो फुडो करपाक भारताकडे जर्मनीच्या एकचाराची तोखणाय केली. Byte 21 sec

भारत-जर्मनी रणनिती भागीदारी वाडोवपाक तशेच आतंकवादाक आडावपा सयत मुखेल जागतीक प्रस्नांचेर तांणी विचारांचो आदान-प्रदान केले. भारत आनी जर्मनी हांचे मदीं वाडत आशिल्ली भागीदारी ही अनिश्चीत संवसारांतल्या स्थिरतायेचो म्हत्वाचो घटक अशें ताणी मुखार म्हळे.

BJP 90

ऑपरेशन सिंदूराचो उल्लेख करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचेर केल्ल्या उलोवपा खातीर भाजपान आयज काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधीचेर टिका केली. प्रधानमंत्र्याक प्रस्न विचारतना गांधी हाणी वापरिल्ले भाशेक पक्षान हरकत घेतल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना पक्षाचे प्रवक्ते गौरव भाटिया हांणी आरोप केलो की, ज्या काळांत 140 कोटी लोक मोदीच्या फुडारपणा फाटल्यान आसात आनी सगळेकडेन ताची तोखणाय करतात, त्या वेळार काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी भारताच्या आतंकवाद विरोधी यशस्वी मोहिमेचेर बेजबाबदार टिप्पणी करतात. जाची सगलेच कौतुक करतात त्या भारतीय सशस्त्र दळांचें मनोबल गांधी हाणी उणें केल्ल्याचो आरोप तांणी केलो. गांधीच्या वक्तव्याचो फायदो पाकिस्तानी माध्यमांनी घेतला अशेंय तांणी म्हणले.

क्रिकेट 20

आयपीएल क्रिकेटांत आयज लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमांर  रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद हांचे मदीं खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातली.

हवामान 45

भारतीय हवामान खात्यान दक्षिण कोंकण, दर्यादेग आनी कर्नाटक घाट, मध्य महाराष्ट्र आनी गोंयांत व्हड पावस पडपा खातीर रेड आनी ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आकाशवाणी कडेन उलयतना भारतीय हवामानशास्त्रज्ञ डॉ.आर. आर. के. जेनामानी हाणी म्हणले की फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळात मान्सूनच्या आगमना खातीर सगली परिस्थिती अनुकूल आसा.